*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**<u>बोरी पुलाच्या कंपनाविशीं भौशीक बांदकाम खात्याचो खुलासो</u>**

ता. 9 ऑक्टोबर 2019

बोरी पुलाचेर जे कंपन (वायब्रेशन) जाता ते फिंगर टाईप एक्सपान्शन जाँन्टाक लागून जाता आनी ताचें दुरूस्तीकाम रोखडेच सुरू करतले, असो खुलासो भौशीक बांदकाम खात्याच्या संबंदीत अभियंत्यान केला. बोरी पुलावयल्यान जेन्ना अवजड वाहनांची येरादारी चालू आसता तेन्ना पुलाचेर कंपन (वायब्रेशन) जाता म्हणपाच्यो बातम्यों कांय दिसाळ्यांनी छापून आयल्यात ते विशीं हो खुलासो केला. बोरी पुलाची कांय म्हत्वाची दुरूस्ती मुंबयच्या फ्रेसीनेट प्रिस्ट्रेसड काँक्रिट कंपनीन केल्ली आसून ह्या कंपनी कडल्यान तीन वर्सा मेरेन पुलाची देखभाल जातली.

बोरी पुलाक 33 वर्सां पूर्ण जाल्ली आसून ह्या पुलाक पर्याय म्हूण नवो पूल बांदपाचो प्रस्ताव तयार केल्लो आसा आनी ताका केंद्रीय म्हामार्ग मंत्रालयाची मान्यताय मेळिल्ली आसा. सरकाराक ह्या पुलाविशीं काळजी आसा आनी ताच्या सुरक्षेखातीर आवश्यक उपाय सुरू केल्ले आसा, अशें खुलाशात म्हणला.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/673